गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी - गोंय

पत्रक

**<u>२ डिसेंबराक गांधी कथा कार्यावळीचे आयोजन</u>**

ता .२७ नोव्हेंबर २०१९

०६ मार्गशीष १९४१

कला आनी संस्कृती संचालनालयान राजभवन गोंयच्या सहकार्यान ता. २ डिसेंबर २०१९ दिसा सांजेच्या ५.०० वरांसावन संस्कृती भवन पाटो-पणजी हांगा गांधी कथा कार्यावळीचे आयोजन केला. महात्मा गांधीजीच्या १५० व्या जयंती वर्सानिमतान ह्या कार्यावळीचे आयोजन केला.

राज्यपाल श्री. सत्यपाल मलीक, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत कला आनी संस्कृती ,सचिव श्री. चोखाराम गर्ग आनी गोंय विध्यापिठाचे उपकुलगूरू प्रो. वरूण साहनी ह्या कार्यावळीक खास सोयरे म्हुण हजर रावतले.

गांधी कथा कार्यावळीक सगळीकडेन लोकांकडल्यान बरो प्रतिसाद मेळ्ळा. ह्या कार्यावळीतल्यान महात्मा गांधीजीची तत्वां, विचार, कार्य आनी जीणेचेर उजवाड घालतात.

गांधी कथा कार्यावळीतल्यान डॉ. शोभना राधाकृष्ण आनी डॉ. रवी चोप्रा महात्मा गांधीजीच्या भुमिकेतल्यान एक समाजीक कार्यकर्ते, राजकीय संघटक, स्वातंत्र्य सैनिक, धार्मिक विचारवंत, शिक्षणतज्ञ, अर्थतज्ञ, दूरदृश्टीचे फुडारी म्हुण तांच्या जीणेचेर उजवाड घालतले.

गोंयच्या लोकांनी, गांधी प्रेमीनी आनी कथा मोगीनी ह्या कार्यावळीक व्हडा संख्येन हजर रावचे, अशें आयोजकांनी मागला. कार्यावळ सगळ्याखातीर उकती आसा.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ प्रधु/ २०१९/ ८०५

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA